# जल जीवन येवजणेचो शुभारंभ

ता. 10 जानेवारी 2020

प्रत्येक घराक 2024 मेरेन उदका पायपलायनीचे कनेक्शन दिवपाच्या उद्देशान देशात “जल जीवन मिशन” ही केंद्र पुरस्कृत येवजण चालीक लायल्या. राज्य सरकारान ह्या येवजणेचे शंभर टक्के उद्दीश्ट पूर्ण करपाच्या उद्देशान काम सुरू केला.

भौशीक बांदकाम खात्यान ग्रामीण आनी शारी वाठारांतल्या दर एक घराक 2024 मेरेन नळाचे कनेक्शन दिवपाचे थारायला. जांच्या घरांक नळाचे कनेक्शन ना तांणी भौशीक बांदकाम खात्याच्या उदका पुरवण विभागाच्या सहाय्यक अभियंत्याच्या कार्यालयात संपर्क करून आवश्यक दाखल्या सयत आपलो अर्ज सादर करचो, जेणे करून खात्याच्या अधिकाऱ्यांक उदका कनेक्शन दिवपाचे काम करपाक सोपे जातले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/34

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA